# म्हाविद्यालय रेड रिबन क्लबांच्या विद्यार्थ्यांखातीर रेड रन सर्तीचे आयोजन

ता.. 12 सप्टेंबर 2023

गोंय राज्य एड्स नियंत्रण संस्थेन 10 सप्टेंबर 2023 दिसा व्ही. एम. साळगांवकर कायदो म्हाविद्यालय, मिरामार हांगाच्यान 'राज्य रेड रन' सर्तीचे आयोजन केल्ले. भलायकी सेवा संचालनालयाच्या राज्य कुटुंब कल्याण मंडळाचे मुख्य वैजकी अधिकारी डॉ.उत्तम देसाय हांणी गोंय राज्य एड्स नियंत्रण संस्थेचे प्रकल्प संचालक डॉ. गोकुळदास सावंत हांच्या उपस्थितीत बावटो दाखोवन सर्तीक सुरवात केली.

दादल्यांच्या गटात धारबांदोडाच्या मल्टी-फॅकल्टी म्हाविद्यालयाचे श्री संतोष रामू येडगे हांणी सर्तीचे पयले इनाम मेळयले. दुसरे इनाम काणकोणच्या श्री मल्लिकार्जुन म्हाविद्यालयाचे श्री. सूरज दत्ता वेळीप हांणी जाल्यार तिसरे इनाम झवारीनगर वास्कोच्या एमईएस वसंत जोशी कला आनी वाणिज्य म्हाविद्यालयाच्या देवराज चलवादी हांणी मेळयले.

बायलांच्या गटात नावेलीच्या रोझरी म्हाविद्यालयाच्या अयान सुवारीस हीणे पयले इनाम मेळयले. दुसरे इनाम म्हापशेंच्या सेंट झेवियर्स म्हाविद्यालयाच्या स्वेझल डिसौजा जाल्यार तिसरे इनाम कुंकळ्ळीच्या सीईएस कला आनी वाणिज्य म्हाविद्यालयाच्या मर्लिन फर्नांडिस हांणी मेळयले.

ह्या सर्तीखातीर गोंय ॲथलेटिक असोसिएशनान तांत्रिक सहाय्य केले. गोंयच्या म्हाविद्यालयांतल्या रेड रिबन क्लबाच्या वट्ट 36 विद्यार्थ्यांनी ह्या सर्तीत वाटो घेतिल्लो.

दोनीय गटातलो पयलो आनी दुसरो जैतिवंत गोंयात 8 ऑक्टोबर 2023 दिसा बांबोळीच्या ॲथलेटिक स्टेडियमार जावपी राष्ट्रीय रेड रनच्या निमाणे फेरीत सहभागी जातले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/717

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.